Akashvani Panaji

Regional News

13th jan 2025 7.20pm

Dip

राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी आयज लोकभवनात आयोजीत कार्यक्रमात सुमार 200 डायलिसीस आनी कॅन्सर दुयेंतींक अर्थीक मजत भेटयली. राज्यपाल मजत निधीतल्यान ही अर्थीक मजत भेटयल्या. आदले राज्यपाल श्री. पी.एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी डायलिसीस आनी कॅन्सर दुयेंतींक अशी अर्थीक मजत दिवपाक सुरवात केल्ली आनी आता सध्याच्या राज्यपालान ती चालू दवरल्या, अशें राज्यपालांचे सचीव श्री. अर्जुन मोहन, आयएएस हांणी येवकाराच्या भाशणात सांगलें.

Sushant

कोंकणी भाशा मंडळान आयोजीत केल्ल्या २७ व्या गोवा युवा महोत्सवाचे येवकार अध्यक्ष म्हणून नरेंद्र सावयकार हांका एकमतान वेंचून काडल्यात. दक्षिण गोंयचे आदले खासदार आनी गोंय सरकाराच्या अनिवासी भारतीय आयोगाचे अध्यक्ष नरेंद्र सावयकार हे विद्यार्थी काळासावन वेगवेगळ्या चळवळींनी वावुरतात. अंदूंचो युवा महोत्सव गोवा विद्याप्रसारक मंडळ फोंडा आनी अंतरूज घुडयो बांदोडा हांणी जोडपणान आयोजीत केला. जी.व्ही. एम.कॉलेज फार्मागुडी हांगा 17 आनी 18 जानेवारीक हो महोत्सव जातलो. एक हजारा परस चड स्पर्धक आणि विद्यार्थी ह्या महोत्सवाक हाजीर आसतले अशे आयोजकांनी कळयला.

Dip 111

विशेश मतदार वळेरीं उजळणी मोहिमेच्या प्रक्रियेचो भाग म्हूण काल सगळें मतदार नोंदणी अधिकारी आनी राजकीय पक्षांच्या प्रतिनिधींची सप्तकी बसका जाली. मतदार वळेरीं उजळणी प्रक्रिया पारदर्शक जावपा खातीर आनी

ह्या प्रक्रियेंत राजकीय पक्षांच्या प्रतिनिधींचो सक्रिय सहभाग वाडोवपा खातीर दावें आनी आक्षेपांची सप्तकी यादी अधिकृत राजकीय पक्षांच्या प्रतिनिधींक दिवपाचो आदेश मतदार नोंदणी अधिकाऱ्यांक दिलो.बसकेत राजकीय पक्षांच्या प्रतिनिधींक सप्तकाच्या काळांत आयिल्लें दावें आनी आक्षेपांची म्हायती दिली. दावें आनी आक्षेपांची सप्तकी यादी, पोंच, फोटोग्राफ आनी हेर संबंदीत दस्तावेज विधानसभा मतदारसंघ प्रमाण दक्षीण गोंय जिल्हाधिकाऱ्याच्या वेबसायटीचेर अपलोड केल्ले आसा. विशेश मतदार वळेरीं उजळणी प्रक्रिया भारतीय वेंचणूक आयोगाच्या निर्देशा प्रमाण पारदर्शक, आसपावीत, अचूक पद्दतीन आनी मुक्त, न्याय आनी सहभागाच्या प्रक्रियेतल्यान पुर्ण करपा खातीर वेंचणूक यंत्रणां कटीबद्द आसा.

Sushant 152

गोंयांतल्या साबार भुरग्यांचे लक्ष लागून राविल्ल्या तिसऱ्या बुलबुल आंतरराष्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सवाक आयजसावन सुरुवात जाल्या. सध्या मडगावच्या रवीन्द्र भवनात ह्या महोत्सवाचो उक्तावण सुवाळो चालू आसा. १७ जानेवारीमेरेन हो महोत्सव चलपाचो आसून ३८ देशांतले वट्ट ७३ सिनेमा प्रदर्शित करतले.नामनेचे फिल्म अभिनेते आणि दिग्दर्शक नागराज मंजुळे हांच्या उपस्थितीत  भाैशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी ह्या महाेत्सवाचे आयज उक्तावण केले. हाे महाेत्सव गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याच्या पालवान घडोवन हाडिल्लो आसा. नामनेचे दिग्दर्शक रोहन मापुसकर हांच्या ‘एप्रिल-मे ९९’ ह्या मराठी चित्रपटान ह्या महोत्सवात सुरवात जाली. रवीन्द्र भवनाचे आदले अध्यक्ष आनी नामनेचे कलाकार दामोदर नायक हे ह्यावेळार हाजीर आशिल्ले.ह्या महोत्सवाखातीर रवीन्द्र भवन वाठारात ल्हान भुरग्यांक आकर्शित करपी सेट तयार केल्लो आसून आयज धोल ताशांच्या वाजपात महाेत्सवा आयिल्ल्या मानेस्तांक येवकार दिला. सध्या हो सुवाळाे मडगावात चालू आसा.ह्या महोत्सवात गोंयांतल्या सगल्या वाठारांतल्यान शाळांतले विद्यार्थी वांटेकार जावपाचे आसून भुरग्यांखातीर सिनेमा वांगडाच वेगवेगळ्यो सर्ती, कार्यशाळा आनी मनरिजवणेच्यो कार्यावळी घडोवन हाडल्यात अशी म्हायती महोत्सवाचे संयोजक बिपीन खेडेकार हांणी दिल्या.

Jan 70

राष्ट्रीय अविष्कार सप्तका निमतान राज्यातल्या सगळ्या सरकारी आनी अनुदानीत माध्यमिक शाळांनी उदक संवर्धन ह्या विशयाचेर वेगवेगळ्यो कार्यावळी आंखच्यो अशें गोवा राज्य शिक्षण संशोधन मंडळान कळीत केला. राष्ट्रीय अविष्कार सप्तकाच्या दुसऱ्या पांवड्यार संबंद देशभर कार्यावळी चालू आसात. सगळ्या शाळांनी उदक संवर्धन ह्या मध्यवर्ती संकल्पनेचेर कार्यावळी आखतांना विद्यार्थ्यांचो सहभाग मतींत घेवंचो अशें भारत सरकाराच्या शिक्षण खात्यान कळीत केलां. NCERT च्या www. ncert.nic.in ह्या संकेत थळार ह्या विशींची सगळी म्हायती उपलब्ध आसा.

Rashmi 0 hour 275

तुये बांदिल्ले नवे हॉस्पिटल ३० जानेवारीक कार्यरत करतले ,जाल्यार फेब्रुवारी म्हयन्यामेरेन ह्या हॉस्पिटलात लागपी साधन सुविधा, कर्मचारी, तशेच हेर प्रस्न सुटावे जातले अशे आस्वासन भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिला. फार्तोडेचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी नगरपालिका वेचंणुकांखातीर वोर्ड राखीवता तशेचं फेर-रचणुक करतले काय किते असो प्रस्न केलो. ह्या प्रस्नाक जाप दितना मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हे विंशी राज्य वेंचणुक आयोग निर्णय घेतले अशे म्हणला. जाल्यार पेडणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी प्रस्तावीत आंबेडकर भवन केन्ना मेरेन येतले काय असो प्रस्न समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांका केला. ह्यावेळार मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी केंद्र तशेच राज्य सराकराच्य जोडपालवान सरकार आंबेडकर भवन उबारतले अशे म्हणला. ह्या प्रकल्पाखातीर ६ कोटी १० लाख रुपया खर्च येतलो अशी म्हायती दिल्या. राज्यात चोरयो, घरफोडी, देवळाच्यो फंडपेटी, तशेंच हेर चोरयांचे गुन्हयाव वाडला. अशा गुन्याहावांचेर नियंत्रण हाडपाखातीक रोबर्ट मोटरसायकलीवरवी पुलिसांची गस्त वाडोवपाची गरज आसा अशी मागणी कळंगुटचे आमदार मायकल लोबो हांणी केला. जाल्यार हणजुणे दर्यादेग नितळ दवरपाखातीर कोयर नितळसाणी करपाक नेमिल्लो कंत्राटदार नितळसाणीखातीर कर्मचारी दिवपाक उणो पडला. हाका लागुन ह्या वाठारात कोयराच्यो राशी जावपाक लागल्यात अशे शिवोलीचे आमदार डिलायला लोबो हीणे सरकाराच्या नदरेक हाडुन दिले.

Prasad pai 248

गोवा कोंकणी अकादमी पणजी, वर्धा प्रकाशन आनी शिरोडा कोंकणी सेवा केंद्र हांच्या संयुक्तपणान आयोजीत केल्ली एक दीसाच्या सृजनशील बाल साहित्य कार्यशाळा शिरोडाच्या शिवशैल कराई हांगाच्या आशा सभाघरांत जाली. सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी कार्यशाळेचें उक्तावण केलें. ह्या वेळार कोंकणी परिशदेचे कार्यकर्ते अध्यक्ष श्री चेतन आचार्य, कोंकणी भाशा मंडळाचे अध्यक्ष रत्नमाला दिवकर, लेखिका माया अनिल खरंगाटे, आदले प्राचार्य चंद्रकांत हेदे, केंद्राचे अध्यक्ष महेश परकर, कोषाध्यक्ष फ्रांसिस. सचीव विशाल खंडेपारकर, कार्यशाळा समन्वयक संतोष नायक, शशिकांत फडके हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकारान आपल्या उलोवपांत म्हणलें, कोंकणी भास ही एक गोड आनी बरी भास. विविधतायेचे संस्कृतायेंत ताची मुळां आसात. ताची परंपरा खूब पोरनी आसा. विद्यार्थी, शिक्षक आनी संस्थांनी कोंकणी पातळावपाक वावुरपाची गरज आसा. गोंयांत कोंकणी सोडून पर्याय ना. कोंकणी तिगोवन दवरपा खातीर सगल्यांनी मुखार येवन सहकार दिवचो.

Ganesh 246

युनिटी मॉल प्रकल्पाक विरोध करताना विरोधी आमदारांनी हौदात धाव घेवन प्रकल्पा विरोधात घोशणा दिल्यो. तोयार तळ्यासावन युनिटी मॉल प्रकल्प हो ४०० मीटर पयस आसा. मॉलाक विरोध करपी आंदोलकांकडेन चर्चा करपाची सरकाराची तयारी आसा. युनिटी मॉलाचो चडान चड लाव चिंबलच्या लोकांक जातलो, अशें सांगत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी युनिटी मॉलाचे समर्थन केले.आमदार रूडॉल्फ फर्नांडिस हांच्या लक्षवेधी सूचोवणेचेर सभाघरात युनिटी मॉल प्रकल्पाचेर चर्चा केली. कॉंग्रेस, आप सयत सगळ्या विरोधी आमदारांनी प्रकल्पाक विरोध केलो. युनिटी मॉलाच्या विरोधात चिंबलचे ग्रामस्थ फाटले १७दिस आंदोलन करता. हे फांटभुयेर लक्षवेधी सूचोवणेच्या अनुशंगान युनिटी मॉल प्रकल्पाचेर सभाघरात चर्चा जाली. हो प्रकल्प तोयार तळ्याच्या प्रभाव वाठारात ये ना. पर्यावरणा सयत सगळे परवाने घेतल्या उपरांत मॉलाचे काम सुरू जालां. प्रकल्पाचो कसलोच परिणाम तोयार तळ्याचेर जावचो ना, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

महेश सर 238

मुरगांव बंदरातल्यांन जावपि कोळसो हाताळणी वीशयावेल्यान अधिवेशनाच्या आयच्या दुसऱ्या दीसा विरोधी वांगड्यांनी बोवाळ करपाचो यत्न केलो..केपेचे आमदार एल्टन डिकोस्टा हाणी ह्या विशयाचेर मुळ प्रश्न उपस्थित केल्लो.. विरोधी पक्ष फढारी युरी आलेमाव हांणी पर्यावरणीय दाखले घेय नसतना कोळसो हाताळणी सुरू आसा असो आरोप केलो..मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी लेखी निवेदन सभाघरात सादर करून सरकार या विशयाचेर गंभीर आसा अशें स्पष्टपणान सांगले..

मुरगाव मतदार संघात फुडल्या तीन चार म्हयन्याभीतर पीयंवपाच्या उदकाची पुरेशी पुरवण जातली अशी गवाय पीयंवपाच्या उदका खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाई हाणी विधानसभेत दिली.आमदार संकल्प आमोणकर हांच्या प्रशनाक ते जाप दीताले.

Weather

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३4.9डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

Sports

मडगाव क्रिकेट कलबाच्या २६ धावानी परभाव करून आर्लेम क्रिकेट कलबान माशे क्रिकेट कलबान आयोजित केलेल्या ४४व्य नंदा लोलयेकर स्मृती लथेर्बल क्रिकेट स्पर्धचो शेवटचो खेळ मोशेच्या निराकार मैदानाचेर जालो